*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**मतदार वळेरी उजळणी कार्यक्रम**

ता. 16 डिसेंबर 2019

वेंचणूक आयोगान 16 डिसेंबर 2019 सावन विशेश मतदार वळेरी उजळणी मोहिम सुरू केल्या. मतदार आनी राजकीय पक्षांक मतदार वळेरी तपासपा खातीर संबंदीत मतदान केंद्र, संबंदीत निर्वाचन अधिकारी आनी उपजिल्हाधिकाऱ्याच्या कचेरीत उपलब्ध आसा.

मतदारांनी वळेरीतल्या आपल्या नावाची तपासणी करची आनी कसलीय दुरूस्ती करपाची आसल्यार तसो अर्ज भरून दुरूस्ती करून घेवची. तशेंच 1 जानेवारी 2020 ही पात्र तारीख धरून पिरायेची 18 वर्सां पुर्ण करप्यांनी संबंदीत अर्ज भरून आपले नाव मतदार वळेरीत घालून घेवचे.

मतदार वळेरी विशीं कसलेय कागाळ वा आक्षेप आसल्यार ते ता. 16 डिसेंबर 2019 ते 15 जानेवारी 2020 मेरेन स्विकारतले आनी 27 जानेवारी 2020 मेरेन ते निकालात काडटले. 4 फेब्रुवारी 2020 मेरेन पुरवणी वळेरी तयार जातली आनी 7 फेब्रुवारी 2020 दिसा अंतिम वळेरी तयार जातली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/868

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA